14th August 2025 सकाळी - 8.40

## राष्ट्रीय खबर

### मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज, स्वातंत्र्य दिसाच्या पूर्व सांजेर, राष्ट्राक संबोधित करतल्यो.

- भारतान, १०० गिगावॅट सौर पीव्ही मॉड्यूल उत्पादन क्षमतेचो, एक महत्त्वाचो पावडो गाठला.

- उत्तराखंडांत मंत्रीमंडळान, आदल्या अग्निवीरांक सरकारी सेवेंत थेट भरती करपाखातीर, 10 टक्के आरक्षणाक मान्यताय दिल्या.

- दिल्लीतल्या भटक्या सुण्यांच्या समस्ये विशीं, सर्वोच्च न्यायालयान हालींच दिल्ल्या आदेशाची, परतून तपासणी. ह्या प्रकरणाचेर आयज सुनावणी जातली.

- हवामान खात्यान आयज जम्मू-काश्मीर, हिमाचल प्रदेश, आनी दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेशांत, उटनगराच्या पावसाचो अदमास उक्तायला.

Prez – 60

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज 79व्या स्वातंत्र्य दिसाच्या पूर्व सांजेर राष्ट्राक संबोधित करतल्यो. हें संबोधन सांजवेळा 7 वरांचेर आकाशवाणीच्या पुराय राष्ट्रीय नेटवर्काचेर प्रसारीत जातलें आनी दूरदर्शनाच्या सगळ्या चॅनलांचेर हिंदींतल्यान आनी उपरांत इंग्लीशत प्रसारीत जातलें. दूरदर्शनाचेर हिंदी आनी इंग्लीश भाशेंतल्यान संबोधनाचें प्रसारण उपरांत दूरदर्शनाच्या प्रादेशिक चॅनलांनी प्रादेशिक

भाशांनी प्रसारण जातलें.आकाशवाणी आपल्या प्रादेशिक नेटवर्कांचेर रातच्या 9:30 वरांचेर प्रादेशिक भाशानी हाजे प्रसारण करतली.

पीएम टुमॉरो -

राष्ट्र फाल्यां आपलो ७९ वो स्वातंत्र्य दीस मनयता. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी दिल्लीच्या लाल किल्ल्यांवेल्यान ह्या सुवाळ्याचे फुडारपण करतले. प्रधानमंत्री राष्ट्र ध्वज उबारतले आनी देशाक संबोधित करतले. सरकाराची 2047 मेरेन विकसित भारताची मोख साकार करपाचे दिकेन, देश मुखार पावलां उबारता. देखून, ह्या वर्साच्या सुवाळ्याचो विशय 'नया भारत' आसा. समृध्द, सुरक्षीत आनी धाडसी नव भारताच्या उदरगतीचो सेगीत उगडास करपाक आनी प्रगतीच्या मार्गाचेर आनीक मुखार सरपाची, हातूंतल्यान नवी शक्त मेळटली.

सौर पीएम -

भारतान मॉडेल्स आणि उत्पादकांच्या मंजूर यादीत, समाविष्ट आशील्या १०० गिगावॅट सौर पीव्ही मॉड्यूल उत्पादन क्षमतेचो एक महत्त्वाचो पावडो गाठला, जो २०१४ वर्सा फक्त २.३ गिगावॅट आशिल्लो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ह्या यत्नांची तोखणाय करून, ताका आत्मनिर्भरतायेच्या दिकेनं एक मार्गदर्शक पावलं, अशें म्हळें. सोशल मिडियाचेर तांणी केल्ल्या पोस्टांत तांणी सांगलें, कि उत्पादन क्षमताय आनी निवळ उर्जा लोकप्रिय करपाच्या मळार, भारतान मेळिल्ल्या यशाचें हे प्रतिबिंब आसा.

अग्नीविर -

उत्तराखंडांत राज्य मंत्रीमंडळान, आदल्या अग्निवीरांक लश्करांतल्यान परत येतकच, सरकारी सेवेंत थेट भरती करपा खातीर, 10 टक्के आरक्षणाक मान्यताय दिल्या. काल मुख्यमंत्री पुष्कर सिंग धामी हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ले बसकेंत, मंत्रीमंडळान हि मंजुरी दिली. हें आरक्षण राज्य सरकारा खाला सेवांनी 'सी' गटाच्या पदांक लागू आसा. मजगतीं, मंत्रीमंडळान बेकायदेशीर धर्मांतराचेर आळाबंदा हाडपा खातीर, कडक तरतुदी घालून, उत्तराखंड धर्म स्वातंत्र्य (दुरुस्ती) विधेयक, 2025साक लेगीत मान्यताय दिल्या.

दिल्ली सुणें - 70

दिल्ली-एनसीआरांतल्या भटक्या सुण्यांच्या समस्ये विशीं, सर्वोच्च न्यायालयान हालींच दिल्ल्या आदेशाची, परतून तपासणी जातली. भारताच्या मुखेल न्यायाधीशान ह्याच खातीर, न्यायाधीश विक्रम नाथ, संदीप मेहता, आनी एन.व्ही. अंजारिया ह्या तीन न्यायाधीशांचे, खंडपिठ तयार केला. ह्या प्रकरणाचेर आयज सुनावणी जातली. काल हाचे आदीं, एका वकिलान सर्वोच्च न्यायालयाच्या वेगवेगळ्या खंडपिठांनी विरोधी निर्देश जारी केल्यात, अशें सांगून ह्या प्रकरणाची उल्लेख केल्या उपरांत, CJI बीआर गवाय हांणी, सुण्यां संबंदीत चालू आशिल्ल्या प्रस्नाची तपासणी करतले अशें सांगिल्लें.

शेतकरी - 40

परकीय दबाव आसून लेगीत, वेपार करारांत घेतील्ल्या धाडसी निर्णयाखातीर, देशभरांतल्या शेतकारांनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे उपकार मानल्यात.

तशेच भारतीय शेतकार संघटनेचे राष्ट्रीय अध्यक्ष, धर्मेंद्र चौधरी हाणी म्हणाला, कि

Rashtrapati – 105

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज राष्ट्रपती भवनात अमृत उद्यानाच्या वर्सुकी उन्हाळी आवृत्तीचे उद्घाटन करतल्यो. अमृत उद्यान शेनवारा सावन सकाळीं 10 ते सांजे 6 मेरेन 14 सप्टेंबर मेरेन लोकां खातीर उक्ते आसतलें.29 ऑगस्टाक राष्ट्रीय खेळां दीस मनोवपा खातीर एथलीट आनी खेळगड्यांक अमृत उद्यानांत खाशेलो प्रवेश मेळटलो आनी 5 सप्टेंबराक शिक्षक दीस मनोवपा खातीर शिक्षकांक खाशेलो प्रवेश मेळटलो. बागेच्या मार्गात बाल वाटिका, हर्बल गार्डन, बोन्साय गार्डन, सेंट्रल लॉन, लाँग गार्डन आणि सर्कुलर गार्डन हांचो आस्पाव आसतलो. अमृत उद्यानांत प्रवेश फुकट आसतलो आनी सत्रांत विद्यार्थ्यांच्या पंगडांक राष्ट्रपती भवन संग्रहालयांत फुकट प्रवेश मेळटलो. तशेंच visit.rastrapatibhavan.gov.in ह्या संकेतथळार ऑनलायन तिकीट बुक करूंक शकतात. अमृत उद्यान सगले सोमारा बंद आसतले.

CM – 50

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी केंद्रीय गृहमंत्री आनी सहकार मंत्री अमित शाह हांची नवी दिल्लींत भेट घेतली. गोंय अनुसुचीत जमाती राजकी आरक्षण विधेयक संमत जाल्ल्या खातीर मुखेलमंत्र्यांनी मनापासून उपकार मानले. म्हजे घर येवजन आणि राज्याच्या विकासा खातीर हेर साबार प्रमुख उपक्रम सुरू करपाखातीर मुखेलमंत्र्यांनी सप्टेंबरात गोय भेटेर येवपाचे आमंत्रण शाह हांका दिले.

Panchayat Independence Day - 120

देशाचे स्वातंत्र्य दीसाक फकत दोन दीस उरील्यान देशांत, नेटान तयारी सुरू आसा. हे फाटभुंयेर पाकिस्ताना वांगडा आशिल्ल्या शिम वाठारांनी सुरक्षा वाडयल्या. कायदो आनी सुवेवस्था सांबाळपा खातीर अर्द सैनिक दळ आनी कमांडो सयत हजारांनी सुरक्षा कर्मचाऱ्यांक, नेमल्यात. स्वातंत्र्य दिसा निमतान श्रीलंकेच्या कोलंबो शारांत स्वामी विवेकानंद सांस्कृतीक केंद्रान संगीत कार्यावळ घडोवन हाडल्या. ह्या कार्यावळीत नामनेची गायिका कविता कृष्णमूर्ती आनी व्हायोलीनवादक एल. सुब्रमण्यम वाटेकर जातले. आयच्यान फुडले तीन दीस हर घर तिरंगा अभियाना खाला दर इकल्यान आपल्या घरांत तिरंगो हूबवपाचें आवाहन केलां. केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हाणी आपल्या राबीत्या घरा तिरंगो हूबयलो. इतले मजगती, 15 ऑगस्टाक नवी दिल्लींत जावपी स्वातंत्र्य दिसाच्या कार्यावळीत, दोनशें धा पंचायत फुडारी, खाशेले सोयरे म्हणून हाजीर आसतले. हेविशी आमच्या खबराकारान सांगले, कि

(बाइट्स – Aman Panchayat 21 sec )

Virendra Kumar Nasha Mukta - 35

समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्री डॉ. वीरेंद्र कुमार हाणी, घुवळे वखदाचो दुरुपेयग, देशाच्या सामाजिक रचनेचेर प्रतिकूल परिणाम करता, अशे सांगला. नवी दिल्लींत काल 'ड्रग मुक्त भारत मोहिमेक' पांच वर्स पुराय जाल्या निमतान, ते उलयताले.

(Byte - Virendra Kumar )

Boxing – 85

हरियाणाच्या तरणाट्या बॉक्सिंग ब्रिगेडान सब ज्युनियर, अंडर- 15 चले आनी चलयो राष्ट्रीय सर्तींत अदभूत ऑल राउंड कामगिरी करून काल ग्रेटर नोयडा हांगा दोनूय विभागांत एकंदर पंगड खिताब जिखले. हरियाणाच्या बॉक्सरांनी कुशळटाय, शक्त आनी सुसंगती एकठांय करून सर्विसेसाच्या मुखार क्रमवारींत पयल्या क्रमांकाचेर पावल दवरलें. चल्यांच्या विभागांत हरियाणान 4 भांगरा, 2 रुप्या आनी 6 कांस्य पदकां मेळोवन पंगडाचो मुकुट मेळयलो जाल्यार सर्विसिसान 5 भांगरा, 4 रुप्या आनी 9 कांस्य पदकां मेळोवन लागीं लागीं पावली. उत्तर प्रदेशान 2 भांगरा, 1 रुप्या आनी 2 कांस्य पदक मेळयली.

IMD – 100

हवामान खात्यान आयज जम्मू-काश्मीर, हिमाचल प्रदेश, उदेंत मध्य प्रदेश, विदर्भ प्रदेश आनी दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेशांत उटनगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. हाचे वांगडाच फुडल्या

पांच दिसांत उत्तराखंडांतय खूब पावस पडपाची शक्यताय आसा. पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ आनी उत्तर प्रदेशांतल्या वाठारांनी शेनवारा मेरेन अशीच परिस्थिती उरपाची शक्यताय आसा. ह्या म्हयन्याच्या 19 तारखे मेरेन मध्य प्रदेश, विदर्भा आनी छत्तीसगडांत आनी फुडल्या दोन दिसांनी बिहारांत व्हड प्रमाणांत पावस पडूं येता. मजगतीं, दिल्ली आनी भोंवतणच्या वाठारांनी आयज सकाळीं हलको पावस पडलो.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज, स्वातंत्र्य दिसाच्या पूर्व सांजेर, राष्ट्राक संबोधित करतल्यो.

- भारतान, १०० गिगावॅट सौर पीव्ही मॉड्यूल उत्पादन क्षमतेचो, एक महत्त्वाचो पावडो गाठला.

- उत्तराखंडांत मंत्रीमंडळान, आदल्या अग्निवीरांक सरकारी सेवेंत थेट भरती करपाखातीर, 10 टक्के आरक्षणाक मान्यताय दिल्या.

- दिल्लीतल्या भटक्या सुण्यांच्या समस्ये विशीं, सर्वोच्च न्यायालयान हालींच दिल्ल्या आदेशाची, परतून तपासणी. ह्या प्रकरणाचेर आयज सुनावणी जातली.

- हवामान खात्यान आयज जम्मू-काश्मीर, हिमाचल प्रदेश, आनी दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेशांत, उटनगराच्या पावसाचो अदमास उक्तायला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार